# 17 आमी तयार करूंया

## अभिनय 3 दृश्य 5 — दृश्य तयार करात

### कृती 10 भुमिका नाटक

आ ! निमाणें आमकां आतां उलोवपाक मेळटा ! म्हणटकच देहबोली, अभिव्यक्ती आनी प्रॉपांच्या वापरान... आमचे कडेन आनीक एक जादूई साधन आसा – स्पीच. हें सोंपें जातलें ? सोंपें दिसलें तरी... नासूं येता. आमी सामके फुडें वचूया आनी... दृश्य तयार करया ! !



मुळावें प्रगत सर्जनशीलता, कल्पनाशक्ती आनी संचार ह्या संकल्पनांची जाणविकाय जी रंगमाचयेची मुळावी तत्वां आसात, आमी अभिनय सुरू करपाक तयार आसात ! !



**सुचोवण्यो** – तुमी दोन पंगडांनी काम करतले. शिक्षक तुमकां दरेकल्याक पात्रां आनी एक परिस्थिती दितले. ताच्या आदारान तुमचें आनी तुमच्या इश्टाचें उलोवप जातले. तुमी प्रॉप्स (खरें वा सुचोवपी) वापरूंक शकतात. जो मेरेन शिक्षक तुमकां थांबपाक सांगनात तो मेरेन संभाषण चालू दवरचें. आवाज सादें बरोबर ?

**मुळावें**

पुलीस आनी चोर हांचे मदीं जाल्लें संभाषण, दुयेंतीचेर आनी दोतराचेर आदारीत परिस्थिती, तुमचे निश्चित कल्पना: आवयन चॉकलेट विकतें घेवपाक तुमकां पयशे दिवपाक, मदत करप, सांगप, इश्टा खातीर वाडदिसाचें सप्रायज. सरप्राइज दिवपाची येवजण करप, प्रामाणीकपण, आदर.

**अग्रीम**

संकल्पनांचेर आदारिल्ल्यो परिस्थिती: मदत करप, , प्रामाणीकपणा, आदर.आदी.



**तुमी शिकतली**

समन्वय, प्रॉपाचो वापर, आत्मविस्वास, परिस्थितींचे दृश्य तयार करप, संघान वावर..

© NCERT not to be republished

## चर्चा आनी प्रतिक्रिया

- तुमकां दुसऱ्या पात्रा सारको अभिनय आवडलो?
- खंयची परिस्थिती करपाक कठीण आशिल्ली आनी कित्याक?
- उलोयत वा उलोयना बगर सोंपें आशिल्लें?
- तुमी स्वता विशीं खंयची एक नवी गजाल शिकली?




## वर्तुळ वेळ नोंदी



जादूच्या साधनान उलोवप तें सोंपें केलें? वा फकत फुडें कितें म्हणचें हाचेर लक्ष केंद्रीत केल्ल्यान तुमी देहबोली विशीं सगळें विसरले? तुमची देहबोली, भाव आनी उलोवप हांचो समन्वय सादप हो कृती करपाचो सगळ्यांत बरो मार्ग. चडूच जालें..? हुस्को करनाकात, सराव केल्ल्यान तें सोंपें जातलें. दिसपट्टे सराव करपा खातीर: जेन्ना जेन्ना तुमी घरांत वा शाळेंत वा इश्टां वांगडा उलयतात तेन्ना तुमचे कडेन कसल्यो कृती आनी अभिव्यक्ती आसात हाचेर लक्ष दिवचें. हेरांचेंय निरिक्षण करचें.



© NCERT not to be republished

## दृश्य 6 — कृतींतल्यान काणयो

पयलीं तुमी दृश्यांत फकत दोन कलाकार आशिल्ले. आतां आमी आनीक जोडटात! तुमी वैयक्तीक रितीन जें करतात तें एकच अभिव्यक्ती, कृती आनी उलोवप आसलें तरी प्रक्रिया पुरायपणान वेगळी आसता. गटांत काम करतना दृश्य बरें जाता? ताका लागून चड त्रास जाता? कशेंच ना... जितलो चड आनंदी!!



### कृती 11 गटांत भुमिका करात

वर्ग 5 वा 6 च्या गटांनी वाटात. दर एका गटाक एक सादी काणी मेळटली. भुरगीं तयारी, सराव आनी सादरीकरण करतली!!



**मुळावें**

हेर पाठ्यपुस्तकांतल्या वेगवेगळ्या पाठांतल्यान वळखीच्यो कथा मेळूं येतात, देखीक, भाशेचीं पुस्तकां, इतिहासाचीं पुस्तकां आदी.

**अग्रीम**

महाकाव्यां, आख्यायिका, तेनाली राम, पंचतंत्र वा हेर साहित्यांतल्यान विशय घेवंक मेळटात. देखीक- हुशार कावळो, एकलव्य, मांजराचो निर्णय, प्रशिक्षणा वेळार अर्जुनाचें केंद्रीकरण, श्रवणकुमार वा गणेशाची शिव-पार्वती विशीं आशिल्ली भक्ती .

© NCERT not to be republished

**चर्चा आनी अभिप्राय**

- कार्यावळीचो खंयचो भाग तुमकां चड आवडलो? कित्याक?
- कितल्यो काणयो आमच्या इतिहासांतल्यान आनी लोकपरंपरेन केल्ले तुमकां पयलींच खबर आसा?
- हेर खंयच्या काणयेची तुमकां नाटकां करपाक आवडटा?
- स्वता विशीं तातूंतल्यान एक नवी गजाल किदें शिकली?

**वर्तुळ वेळ नोंदी**






तुमच्या विचारसरणेचे आनी प्रक्रियेचे नदरेन पंगडांत काम करप आनी स्वता काम करप खूब वेगळें न्हय? गटांत काम करता तेन्ना तुमी जायतीं वेगवेगळीं कुशळटाय शिकतात. काम करतना सगळ्यांक समान संद मेळटली हाची जतनाय घेतात. दरेकल्याच्या विचारांचो आनी मतांचो विचार करचो पडटा, आनी हें सगळें मतींत घेवन तुमी कितें करतात हाचेर तुमी कशे तरेन निर्णय घेवपाक शकतात हाकाच आमी टीम वर्क म्हणटात.
फुडें वचून, तुमी पंगडांत जायत्यो कार्यावळी करतले, कारण रंगमाची म्हणल्यार एकवटान काम करप. तुमकां पाळो दिवपा खातीर म्हजे कडेन एक सादी टिप आसा, जाका लागून तुमचो पंगड चड कार्यक्षम जातलो. दोश सोदून दुसऱ्यांक दोश दिवचे परस तुमी पंगडाक कितें योगदान दितात हाचो सदांच विचार करात. पंगडांतल्या सगळ्यांनी हें पाळ्ळें जाल्यार तुमचो पंगड सगळ्यांत बरो आसतलो.

© NCERT not to be republished